**भारतीय वेंचणूक आयोगा वतीन बीएलओं खातीर प्रशिक्षण कार्यक्रम**

ता. 24 एप्रिल 2025

भारतीय वेंचणूक आयोगान नवी दिल्ली हांगाच्या इंडिया इंटरनॅशनल इन्स्टिट्यूट ऑफ डेमोक्रसी अँड इलेक्शन मॅनेजमेंट संस्थेत बूथ लेव्हल ऑफिसर्स (BLOs) खातीर 2 दिवसांचे प्रशिक्षण आनी क्षमताय वाड कार्यक्रमाचे आयोजन केला.

बिहार विधानसभेची वेंचणूक लागी पाविल्ली आसून राज्यांतल्या बीएलओं क प्रशिक्षित करपा खातीर पंगडांनी प्रशिक्षण आनी क्षमताय वाड कार्यक्रमाचे आयोजन करपात येता.

बीएलओ क तांची भूमिका आनी जबाबदाऱ्यांची म्हायती करून दिवप आनी त्रुटीमुक्त मतदार यादी सुनिश्चित करप हो प्रशिक्षण कार्यक्रमाचो उद्देश आसा.

जगात भारतीय वेंचणीक प्रक्रियेची तोखणाय जाता आनी वेंचणूक प्रक्रियेची म्हायती जाणून घेवपा खातीर ऑस्ट्रेलिया, युनायटेड किंग्डम, अमेरिका, ब्राझील, इजिप्त, फ्रान्स, इंडोनेशिया, इस्रायल, रशिया, दक्षीण आफ्रिका ह्या सारख्या मोठ्या लोकशाय देशांसयत 141 देशांतल्या तीन हजारा परस चड प्रतिनिधींनीय अशा प्रशिक्षण कार्यक्रमांचो लाव घेतला.

म्हा /सप/ / विगां/ 2025/399

--

----------------------------------------------------------------------------------------------

Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,
Government of Goa,
Udyog Bhavan, Third Floor,
Near Azad Maidan,
Panaji – Goa.